Akashwani Panaji 23rd April 2026 National news 8.40 am

* भाजपाचे जेष्ठ फुडारी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे वांगडा घरमंत्री अमित शाह हांणी आयज तमिळनाडूंत जावपी विधानसभा वेंचणुकेंत आनी अस्तंत बंगालांतल्या पयल्या पाव्द्याच्या मतदानांत नागरिकांनी उमेदीन वांटो घेवचो असो उलो मारला .

*1 मे सावन लागू जावपी ऑनलायन गेमींग नेम 2026 च्या प्रचार आनी नियमाची अधिसुचोवणी सरकारान ज्यारी केल्या

* संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी देशाची जागतीक दूरसंचार हाजीरी घटमूट करपा खातीर तंत्रज्ञान उदरगत आनी गुंतवणूक प्रसार येवजणे खातीर सुदारीत मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत

* भगवान बुध्दाचे पवित्र अवशेश देशांतल्यान प्रदर्शना खातीर लद्दाख संघराज्यांत व्हरपाचे आसात.

Kharge

काँग्रेस अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हानच्याबद्दल केल्या कथित अपमानजनक वक्तव्याच्या निषेधार्थ, भाजपची जेश्ठ फुडारी निर्मला सीतारामन, किरेन रिजिजू, अर्जुन राम मेघवाल आणि अरुण सिंह हांच्या सयत एका शिष्टमंडळान काल वेचणूक आयोगाची भेट घेतली. शिष्टमंडळान आयोगाकडे कडक कारवाईची मागणी केली आणि काँग्रेस अध्यक्षांक हे विशी देशाची माफी मागपाक सांगले. बसके उपरांत प्रसार माध्यमांकडे उलयताना रिजिजू हाणी म्हणाले की,शिष्टमंडळान आयोगाक, देशातलो खंयचोच राजकीय पक्ष अशी भाषा वापरता तर ते लोकशाही विरोधातले एक घृणास्पद कृत्य आसा .शिष्टमंडळान मल्लिकार्जुन खर्गेचेर कडक कारवाय करपाची मागणी केली आनी वेचणूक आयोगान योग्य ती कारवाय करपाचे आश्वासन दिले अशे तांणी सांगले. Byte

मजगती भाजप फुडारी आनी अर्थ मंत्री निर्मला सीतारामन हाणी म्हणले की, काँग्रेस पक्षाच्या अध्यक्षांसारख्या महत्त्वाच्या व्यक्तीन अशा निंदनीय शब्दांत वक्तव्य केल्याचे शिष्टमंडळान आयोगाच्या नि/दर्शनाक हाडले..काँग्रेसीन प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या विरोधात परत अपमानास्पद भाषा वापरपाचो एक नमुनोच दाखयला अशे ताणी म्हळे

Pm

भाजपाचे जेष्ठ फुडारी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे वांगडा घरमंत्री अमित शाह हांणी आयज तमिळनाडूंत जावपी विधानसभा वेंचणुकेंत आनी अस्तंत बंगालांतल्या पयल्या पाव्द्याच्या मतदानांत नागरिकांनी उमेदीन वांटो घेवचो असो उलो मारला . सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधान्मान्त्र्यानी दोनूय राज्यांतल्या तरणाट्या मतदारांक आनी बायलांक व्हड प्रमाणांत मतदान करचें अशें खाशेलें आवाहन केलां. तशेंच लोकशायेच्या ह्या पवित्र कर्तव्यांत सगळ्या मतदारांक उमेदीन वांटो घेवचो असो तांणी उलो मारला. मजगतीं, अस्तंत बंगाल वेंचणुकेचो हो पावडो फकत सध्याच्या काळा खातीर न्हय तर राज्याच्या फुडारा खातीर म्हत्वाचो आसा अशें मंत्शारी हान सांगलें.

Election

अस्तंत बंगालांत आनी तमिळनाडूंतल्या सगल्या 234 विधानसभा सुवातीनी पयल्या पांवड्याचेर विधानसभा वेंचणुके खातीर मतदान सुरू जालां. दोनूय राज्यांनी सकाळीं 7 वरांचेर मतदान सुरू जालें आनी सांजवेळा 6 वरा मेरेन मतदान चालू आसतलें. अस्तंत बंगालांत ह्या पांवड्यार 16 जिल्ह्यांनी पातळिल्ल्या 152 मतदारसंघांनी मतदान सुरू आसा. ह्या मळार 1,478 उमेदवार आसात. 152 मतदारसंघांनी 44 हजारां परस चड मतदान केंद्रां उबारल्यांत. तातूंतले 7,384 बूथ "सुपर-सेंसिटिव्ह" वा "क्रिटिकल" अशें ध्वजांकीत केल्यात. ह्या पांवड्यार सुमार

3.6 कोटी मतदारांनी आपली मताधिकार वापरपाची शक्यताय आसा. मुक्त आनी नितळ मतदान सुनिश्चीत करपा खातीर वेंचणूक आयोगान 2.4 लाखां वयर कर्मचाऱ्यां सयत 2,407 केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळ (सीएपीएफ) कंपनींनी नेमणूक केल्या. मतदान केंद्रां भोंवतणी बेगीन प्रतिक्रिया पंगड स्थापन केल्यात.

तशेंच तमिळनाडूंत एकाच पांवड्यार  सगल्या 234 विधानसभा जाग्यां खातीर मतदान सुरू जालां. 5.73 कोटी वयर मतदार मैदानाचेर आशिल्ल्या 4,023 उमेदवारांचें वेंचणुकेचें नशीब थारायतले. राज्यांत सुगम, वेवस्थीत आनी शांततायेन मतदान जावचें म्हणून वेंचणूक आयोगान विस्तारान, बहुस्तरीय आनी व्यापक वेवस्था केल्या. मतदारांक सहभाग मेळोवपाक आनी सुलभताय सुनिश्चीत करपा खातीर राज्यभर 75 हजारां परस चड मतदान केंद्रां स्थापन केल्यात. सुरक्षा वेवस्था वाडयल्या, कायदो आनी सुवेवस्था सांबाळपा खातीर राज्यभरांतल्या सुमार 84 हजार पुलीस कर्मचाऱ्यांक मतदान केंद्रां, आनी हेर संवेदनशील सुवातींनी तैनात केल्यात.

Gaming

1 मे सावन लागू जावपी ऑनलायन गेमींग नेम 2026 च्या प्रचार आनी नियमाची अधिसुचोवणी सरकारान ज्यारी केल्या.ऑनलायन खेळ हो ऑनलायन पयशांचे खेळ काय परवानगी दिवपी ऑनलायन समाजीक खेळ वा ई-खेळ हें थारावपा खातीर स्पश्ट, पारदर्शक आनी वेळापत्रक यंत्रणा दिवप हो नेमाचो हेत आसा. प्रसार माध्यमाक  ह्या नेमा विशीं म्हायती दितना इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी आयटी मंत्रालयाचे सचीव एस कृष्णन हांणी , हे चौकटींतल्यान खेळांचें वर्गीकरण ऑनलायन पयशे खेळ वा समाजीक खेळ अशें करपा खातीर पर्यायी निर्धारण प्रक्रिया सुरू केल्या, अशे सांगलें.

pollution

वैध प्रदुशण नियंत्रणा खाला प्रमाणपत्र नाशिल्ल्या वाहनांक दिल्लींतल्या इंधन केंद्रांचेर पेट्रोल, डिझेल, सीएनजी वा एलपीजी सारकें इंधन मेळचें ना. राष्ट्रीय राजधानींतल्या वाहनांच्या प्रदुशणाचेर प्रभावी नियंत्रण दवरपा खातीर दिल्ली सरकारान हो निर्णय घेतला. नव्या निर्देशा प्रमाण वैध पीयूसी प्रमाणपत्र आशिल्ल्या वाहनांक खरपणान आनी फकत इंधन पुरवण करतले. सगल्या पेट्रोल पंपांक आनी गॅस आउटलेटांक  आदेश पाळपाचो निर्देश दिला. खंयचीय चूक जाल्यार खर कारवाय करपाक आपयतले अशी शिटकावणी सरकारान अधिकाऱ्यांक दिल्या.

uttarakhand

उत्तराखंडांत चमोली जिल्हयांत आशिल्ल्या बद्रीनाथ धामाचे भक्तां खातीर उक्ते जाले. भक्तांक सुरक्षीत तीर्थयात्रे  खातीर जिल्लो प्रशासनान विस्तारान वेवस्था केल्या. काल केदारनाथ धामाचे पोर्टल भक्तां खातीर उक्ते जाले, जाल्यार गंगोत्री आनी यमुनोत्री धामाची तीर्थयात्रा सुटसुटीतपणान चलता.

buddha

भगवान बुध्दाचे पवित्र  अवशेश लद्दाख संघराज्यांत व्हरपाचे  आसात. देशांतल्यान प्रदर्शना खातीर हे पवित्र अवशेश आपली कायमस्वरूपी सुवात सोडून वचपाची ही पयलीच खेप. केंद्रीय संस्कृती मंत्री गजेंद्र सिंग शेखावत आनी लद्दाखचे उपराज्यपाल विनय कुमार सक्सेना हांणी  नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदे वेळार ही घोशणा केल्या. फुडल्या म्हयन्याच्या पयल्या तारखे  सावन सुरू जावपी हें प्रदर्शन 15 दीस चलपाचें आसा. अवशेशांची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपा खातीर जेड श्रेणी सुरक्षा आशिल्ल्या खाशेल्या विमानांतल्यान व्हरतले.

Scindia

संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी देशाची जागतीक दूरसंचार हाजीरी घटमूट करपा खातीर तंत्रज्ञान उदरगत आनी गुंतवणूक प्रसार येवजणे खातीर सुदारीत मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत.2026-31 ह्या काळांत 203 कोटी रुपया परस चड खर्च केल्ल्या हे येवजणेचो हेतू देशी नवनिर्माणाक चालना दिवप आनी 5जी अ्ववव्हान्सड आनी 6जी सयत फुडले पिळगेच्या तंत्रगिन्यानाच्या विकासाक गती दिवप असो आसा अशें संचारण मंत्रालयान सांगलां..जागतीक मानकां खातीर योगदान दिवपा खातीर, आंतरराष्ट्रीय बसकेक  हाजीर रावपा खातीर, आनी देशांतल्या मुखेल कार्यावळीं खातीर भारतीय भागधारकांक अर्थीक आदार दितले अशें मंत्रालयान उक्तायलें.

Jitendra singh

केंद्रीय मंत्री dr जितेंद्र सिंग हाणी  आहार संबंदीत चुकीची म्हायती दिवपा आड खर कारवाय कर्पचेर उलो मारला आनी पोशणा विशीं पद्दतीचेरूय भर दिला. नवी दिल्लींत ते  Smart Calories and Common Sense: An advanced-Based Guide to Indian Diets . ह्या पुस्तकाच्या विमोचन सुवाळ्यांत  उलयताले. आहार सामान्यीकृत वखदां हातून सुधारणा करूं येत अशे तानी सांगले

war

अमेरिकेच्या आनी इझ्राएलान युद्धविरामाचे उल्लंघन केल्ल्यान होर्मुझ खाडी उक्ती करपाक मेळना अशें इराणान सांगलां. सोशल मिडियाचेर बरयल्ल्या पोस्टांत इराणाचे  मुखेल वाटाघाटी करपी मोहम्मद बाघेर गालिबाफान हाणी , ह्या उल्लंघनांत इराणी बंदरांचेर अमेरिकेच्या नौदलान आडावप, संवसारीक अर्थवेवस्थेक बंधक दवरप आनी इझ्राएलान  झुजारी करपअशे  आसा अशें तांणी सांगलें.

Announcement

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात.

Imd

भारतीय  हवामान खात्यान आयज अस्तंत बंगालात  उश्णतायेचा  ल्हारांचो अदमास उक्तायला आणि ऑरेंज अलर्ट जारी केला.

sports

आयपीएल क्रिकेटांत आयज मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमाचेर मुंबय इंडियन्स आनी चेन्नई सुपर किंग्स ह्या पंगडा मंदी सांजवेळा 07:30 वरांचेर खेळ सुरु  जातलो .

Partun ek favt aycho mukhel khabro

भाजपाचे जेष्ठ फुडारी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे वांगडा घरमंत्री अमित शाह हांणी आयज तमिळनाडूंत जावपी विधानसभा वेंचणुकेंत आनी अस्तंत बंगालांतल्या पयल्या पाव्द्याच्या मतदानांत नागरिकांनी उमेदीन वांटो घेवचो असो उलो मारला .

*1 मे सावन लागू जावपी ऑनलायन गेमींग नेम 2026 च्या प्रचार आनी नियमाची अधिसुचोवणी सरकारान ज्यारी केल्या

* संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी देशाची जागतीक दूरसंचार हाजीरी घटमूट करपा खातीर तंत्रज्ञान उदरगत आनी गुंतवणूक प्रसार येवजणे खातीर सुदारीत मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत

* भगवान बुध्दाचे पवित्र अवशेश देशांतल्यान प्रदर्शना खातीर लद्दाख संघराज्यांत व्हरपाचे आसात.